# पर्यटन आस्थापनांनी फोग लावपाक बंदी

ता. 7 फेब्रुवारी 2026

उत्तर गोंय जिल्हा न्यायदंडाधिकाऱ्यांन पुराय उत्तर गोंय जिल्ह्यात नायट क्लब, बार आनी रेस्टॉरंट्स, हॉटेल्स, गेस्टहाऊस आनी रिसॉर्ट्स, बीच शॅक आनी तात्पुरती बांदकामां आनी कार्यक्रम स्थळां आनी करमणूक आस्थापना सयत पुण ताचे पुरते मर्यादित नाशिल्ल्या पर्यटन आस्थांपनांनी फोग, स्पार्कलर, पायरोटेक्निक इफेक्ट्स, फ्लेम थ्रोअर प्रकारची उपकरणां , धुंवर निर्माण करपी जनरेटर आनी अशां तरेन उज्या धुंवर निर्माण करपी उपकरणां वापरपाक, फोडपाक वा चलोवपाक बंदी लागू केल्या.

ही बंदी सगळें आयोजक, बँक्वेट हॉल, खाजगी कार्यक्रम स्थळां, सभागृह चालक आनी आस्थापनां, नायट क्लब, बार आनी रेस्टॉरंट्स, हॉटेल्स, गेस्टहाऊस आनी रिसॉर्ट्स, बीच शॅक आनी तात्पुरते बांदकाम आनी कार्यक्रम स्थळां आनी करमणूक आस्थापनांक लागू आसा.

अपवादात्मक प्रकरणां खातीर जिल्हा न्यायदंडाधिकारी वा अधिकृत अधिकारी फोग लावपाक परवानगी दिवपाक शकता, पुण त्या खातीर अर्जदारान तपशीलवार सुरक्षा आनी जोखीम कमी करपी सुरक्षा उपाय घेवपाची खात्री दिवपाक जाय.

हो आदेश 8 फेब्रुवारी 2026 सावन लागू जातलो आनी तो पयली फाटी घेतलो ना जाल्यार 60 दीस मेरेन लागू उरतलो. उपजिल्हाधिकारी, संबंदीत पुलीस यंत्रणा ह्या बंदी आदेशाची कडकपणान अंमलबजावणी करतली आनी आदेश मोडप्याआड कडक कारवाय जातली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/110

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.